**Panaji Regional**
**17th May 2025 7.25am**

**Kala Academy – 135**

कला अकादमीची पळोवणी करुन बांधकामात खंय खंय दुरुस्ती जाय, यंत्रणेत खंय आनी कित्याक बिघाड जाला हांचो अहवाल कला अकादमीविंशी नेमिल्लया खासा कृती दळान सराकराक दिला. ह्या अहवालाप्रमाण कला अदाकमीच्या बांधकामात जंय जंय दुरस्ती जाय ते त्याच कंत्राटदाराकडल्यान परत पैशे दिनासताना सरकार करुन घेतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. तशेचं कृती दळाच्या सुचोवणेप्रमाण कला अकादमीत जे किते नवे काम करपाक जाय ताचेखातीर नवे कंत्राट सरकार काडटले. जाल्यार कला अकादमीचे हलक्या दर्जाचे काम केला म्हण संबंधित कंत्राटदाराक कला अकादमीचे आताचे नुतनीकरणाचे काम सोपल्या उपरांत ब्लॅक लिस्टान घालतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री सावंत हांणी दिल्या.

कला अकादमीचो स्लॅब कोसळप, ध्वनी यंत्रणा, प्रकाश योजना ह्या तांत्रिक , तशेंच बांदकामाचो दर्जो घसरील्लयान हांगा कला सादर करपी कलाकारांनी तशेंच रसिकांनी कला अकादमीच्या बाबत दर्जाच्या बांधकामा बाबतीन प्रस्न उप्रासित केल्लो. ते उपरातं सराकरान आता कला अकादमीचे नुतनीकरणाचे काम हातान घेवपाचे थारायला.

**Street Providence – 120**

आलाशिरो नाशिल्ले हेर राज्यातले लोक गोंयच्या रस्त्याच्या कडेक वा हेर सुवातीनी रावतात, अशा गरजुवत नागरीकांची ओळख पटोवन तांका परत तांच्या राज्यात धाडपाखातीर वा तांका थंय आशिल्लया निवारो घरात दवरपाच्या नदरेतल्यान सरकार यत्ज्ञ करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला अशी म्हायती गोंय स्ट्रीट प्रोविड्नस ह्या बिगर सरकारी संघटनेचे मुखेली डोनाल्ड फर्नाडीस हांणी दिल्या. गोंय स्ट्रीट प्रोविडन्सच्या वांगड्यांनी काल मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांची पणजे तांच्या सासकीय बंगल्याचेंर भेट घेवन गोंयात सध्या आलाशिरो नाशिल्लया मनशांची परीस्थितीचो नियाळ दिलो.गोवा स्ट्रीट प्रोविड्न्स संघटनेची गोंयासयत सध्या महाराष्ट्रा,झारखंड आनी मणीपुरांत शेल्टर होम्स आसात . फुडारात कर्नाटका, आनी उत्तर भारतात संघटनेची शएल्टर होम सुरु करतले अशी म्हायती डोनाल्ड फर्नाडीस हांणी दिल्या. मुखेलमंत्र्याची भेट घेतल्या उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना फर्नाडीस हांणी ही म्हायती दिल्या.

**Ponda – 50**

शेतकी मंत्री आणि फोंडाचे आमदार रवी नायक हांणी काल कुर्टी खंडेपार पंचायत वाठरात पावसाच्या आदल्या मुखेल कामांचें उक्तावण केलें, तातूंत रस्त्याचेर हॉट मिक्सिंग आनी पावसाच्या हंगामा आदीं समाजाक आदार दिवपाचे हेर म्हत्वाचे

कामाचो आस्पाव  आसा. ह्या वेळार फोंडा नगरपालिकेचे नगरसेवक रितेश नाईक, समाज वावूरपी आदर्श तोरसकर आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्ले.

**अधिकाऱ्यांची बदली -115**

गोंयात नेमणुक जाल्या आय.ए.एस आनी आय.पी.एस अधिकाऱ्यांची बदली जाल्या. बदलीच्या आदेशाप्रमाण आ.ए. एस  अधिकारी रमेश वर्मा तशेंच सुनील अंचिपका हांची गोंयातल्यान दिल्ली बदली जाल्या. जाल्यार स्नेहा गीते , तशेंच अश्विन चंद्रु आनी यशस्वीनी बी .हांची  गोंयांसावन अरुणाचल प्रदेश बदली जाल्या.    पुलिस म्हासंचालक  ओम विर सिंग  बिश्णोई हांची दिल्ली बदली जाल्या. जाल्यार दिल्लीसांवन केशव राम चौरासिया हांची गोंयात बदली जाल्या.

हे शिवाय गोंयांत पयली कार्यरत आशिल्ले आय.ए.एस  अधिकारी संजीव गडाकर हांची जम्मु आनी काश्मिरासांवन गोंयांत परत बदली जाल्या. , तशेंच यतींद्र मरालकार हांची लदाख सांवन गोंयांत बदली जाल्या.

संतोश सुखदेव हांची लदाख सांवन गोंयांत बदली जाल्या., ते भायर  शकील रेहमा राथर  हांची जम्मु आनी काश्मिरासांवन गोंयातं बदली जाल्या. जाल्यार अर्जुन मोहन हांची लक्षदिपासांवन गोंयांत बदली जाल्या.

**Weather –55**

हवामान खात्यान काल सावन फुडले तीन दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला.१९ तें २१ मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान|35.0    अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान|27.4 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.

---------------------------------------------

**IPL - 45**

इंडियन प्रिमियर लीग (आयपीएल) 2025 सप्तका उपरांत आयज परतून सुरू जाता. आयज रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदली मॅच सांजवेळा 7.30 वरांचेर बेंगळुरूंत जातली. हाचे आदीं भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदल्या तणावाक लागून 9 मे दिसा आयपीएल सर्त स्थगीत केल्ली.